**09.04. 2025 @** **7.20 pm**

नमस्कार आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या प्रादेशिक खबरा विभागा वरवी **rajashri** कामत तुमका प्रादेशिक खबरो दिता

आज मंत्रि मंडळाच्या बसकेत खुपशे निर्णय जालयात. मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हाणी पत्रकरांक ही माहिती दीली
आदीवासी समाजाक राजकी आरक्षण दीवपी विधेयक येता त्या जुलै म्हयन्यात चर्चेक येतले अशी म्हायती राज्यसभेचे खासदार सदानंद शेट तानावडे हांणी दील्या.

**2037** मेरेन विकसीत गोय करपाच्या फांटभुयेर राज्य सरकारान गोंयकारा कडल्यान सुचोवण्यो मागयल्यात. गोंय साख्यीकी आनी मुल्यांकन खात्यान तयार केल्लो **QR code** च्या माध्यमातल्यान गोंयकार आपलयो सुचोवण्यो सरकाराक दींवक शकता.

स्वयंपुर्ण गोंय,केद्रीय तशेच राज्य सरकाराच्या येवजण्याचो लाव गोंयकारा मेरन पावयात अशेय आवाहन मुखेलमंत्र्यान कार्यकर्त्यांक भाजपाच्या सक्रीय कार्यकर्ता मेळाव्या वेळार केले

रश्मि 55
पाच वर्साची घरपटी, घराचो फोटो, स्टरक्टरल स्टेबिलीटी अहवाल, जोडल्या उपरात ह्या घरांक थेट दुरुस्ती करपाक मेळटली. ही प्रक्रिया सुटसीटत करपाचो निर्णय आयच्या मंत्रिमंडळाच्या बसकेत जाला अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या. हे शिवाय गोय सरकाराच्या सक्रपात आशिल्या 250 गाडयांची पावणी सरकार करतले. ही पावणी पर्वरी, मडगाव , म्हापसा हांग जातली अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान दिल्या. **BYTE vehicle** सावंत

रश्मि 55

गोंयच्या खाजन शेतांक पुर्नजिवीत करपाविशीचो अहवाल टेरी संस्था फुडल्या ४ म्हयान्या भितर सादर करतली अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या. सरकारान टेरी कडे आयज कबलात केल्या.  गोंयची दर्या, शेता, नवीकरणीय ऊर्जा, विंशी टेरी संस्था सरकाराक अभ्यास करून सुचोवण्याचो अहवाल दितली संबंधित धोरणा आखताना सरकार ह्यो सुचवण्यो चालीक लायतलो अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या.

रश्मि 40

पंचायत हद्दीत आशिल्लया घरांच्या दुरुस्तीक  अर्ज केल्या उपरांत तीन दिसाभितर पंचायत सचिव ना हरकत दाखलो दितलो. पयली बशेन आता पंचायत बसके उपरांत वा बिडीओ कडल्यान  ना हरकत  दाखल्याची परवानगी घेवपाची गरज ना अशे मुखेलमंत्र दोतोर प्रमोद सावंत हांणी सांगले **BYTE** **HR** सावंत

रश्मि 125

आदीवासी समाजाक राजकी आरक्षण दीवपी विधेयक येता त्या जुलै म्हयन्यात चर्चेक येतले अशी म्हायती राज्यसभेचे खासदार सदानंद शेट तानावडे हांणी दील्या. अर्थसंकल्पीय अधीवेशनात हे वीधेयक चर्चेत येवपाचे आसले,मात वक्फ विधेयकाक लागुन हे विधेयक चर्चेक येवपाचे उरले अशी म्हायती तानावडे हांणी दील्या. अर्थसंकल्पीय अधीवेशनात सदानंद शेट तानावडे हांणी **27** वेगवेगळ्या खात्या संदर्भातले **125** प्रस्न विचारील्ले.तांतुल्ले तारांकीत आनी अतारांकीत अशे **51** प्रस्नाची जाप आपणाक मेळ्ळा अशी म्हायती तांणी दील्या.

जाल्यार शुन्य वराक गोंयात पर्यटन हंगामात विमानाची जावपी तीकीट वाडी  वीशी तशेंच विमानांची **lease,** रीण दीता म्हण सांगुन बोगस फोन कोल करपी कंपन्याआड सायबर क्रायम कारवाय,क्रेडीट कार्डाचो उपेग केल्या उपरांत **cbil** चेर जावपी परीणाम,आनी नावेली मतदार संघातल्या **railway crossing gate** खातीर लोकांक येकरतना जावपी त्रास जाता म्हण **flyover** ची मागणी वीशी खासा मागणी केल्याची म्हायती खासदार सदानंद शेट तानावडे हांणी दील्या.

रश्मि 90

**2037** मेरेन विकसीत गोय करपाच्या फांटभुयेर राज्य सरकारान गोंयकारा कडल्यान सुचोवण्यो मागयल्यात. गोंय साख्यीकी आनी मुल्यांकन खात्यान तयार केल्लो **QR code** च्या माध्यमातल्यान गोंयकार आपलयो सुचोवण्यो सरकाराक दींवक शकता. हो **QR Code goa online** ह्या संकेत स्थळाचेर तशेंच भौशीक सुवातीनी लायतले अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दील्या.**6** म्हयन्याभीतर विकसीत गोय **2037** चो अहवाल तयार जातलो,.गोयात खंयची उदरगत जाय,शेतकी मळ घटमुट करपाक, शिक्षण,गावगीरो वाठाराची उदरगत,बायलांचे सक्षमीकरण कोयर वेवस्थापन,भलायकी, नितळ ऊर्जा ह्या वीशयाचेर गोंयकारानी सरकाराक सुचोवण्यो दीवच्यो. **QR code** च्या माध्यमातल्यान **25** मे मेरेन सुचोवण्यो दीवपाची मुजत आसा अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान दील्या.

रश्मि 150

पक्षाचो कार्यकर्तो हो फकत कार्यकर्तो न्ही,जाल्यार तो पक्षाक घटमुट करपी फुडारी जांवन आसात अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. **2027** विधानसभा वेंचणुकेत **27** परस चड आमदार वेचुन हाडपाची मोख भाजपाच्या कार्यकर्त्यांनी दवरची.स्वयंपुर्ण गोंय,केद्रीय तशेच राज्य सरकाराच्या येवजण्याचो लाव गोंयकारा मेरन पावयात अशेय आवाहन मुखेलमंत्र्यान ह्यावेळार कार्यकर्त्यांक केला.ते पणजे भाजपाच्या सक्रीय कार्यकर्ता मेळाव्या वेळार उलयताले. भाजपाची **voting percentage 33.36%** वेल्यान **52** टक्के करपाचो संकल्प भाजपान दवरल्या अशे गोंय भाजप प्रदेशाध्यक्ष दामोदर नायक हांणी म्हणले. भाजपाचे सरकार उदरगतीक महत्व दीता अशे तांणी म्हणला. भाजप पक्षाचो संस्थापक दीस **6** एप्रीलाक जालो.संस्थापक दीसाच्या फांटभुयेर गोय भाजपान राज्यभर कार्यकर्ता मेळाव्याचे आयोजन केला.ताचोच अय भाग म्हण आयज पणजे गोमन्तक मराठा समाज सभाघरात सक्रीय कार्यकर्ता मेळाव्याचे आयोजन केल्ले. ह्यावेळार भाजपा पक्षाचे कार्यकर्ते व्हडा संख्येन हाजेरी आशीले. ह्यावेळार **one nation one election** समर्थन करपी थाराव समंत जालो. ह्यावेळार प्रदेशाध्यक्ष दामोदर नायक,लोकसभा खासदार श्रीपाद नायक,राज्यसभेचे खासदार सदानंद शेट तानावडे,मंत्री रोहन खंवटे,बाबुश

मोन्सेरात,आमदाराडीलायला लोबो,जेनीफर मोन्सेरात,प्रवीण आर्लेकार,रुदाल्फ फर्नांडीस,राजेश फळदेसाय,प्रेमेंद्र शेट तशेंच हेर मानेस्त हाजीर आशील्ले.

रश्मि 85

खाणानी रंग वापरून तशेंच भेसळ करून गोंयकारांच्या भलायके कडेन खेळ करपी आस्थापनांचेर अन्न आनी वखदां प्रशासन एफडीए कडल्यान धाड घालप सुरू आसा. फुडरांत हे विशीं खर कारवाय करतले अशें भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी मंगळारा पत्रकारां कडेन उलयतना सांगलें. फाटल्या कांय वरसा सावन राज्यांतलीं कांय आस्थापनां खावपाच्या जिनसात व्हड प्रमाणांत भेसळ करीत आसात. ताचो फटको राज्यांतल्या लोकांचे भलायकेक बादता ताका लागून अशा आस्थापनांची म्हायती घेवन तांचेर रोखडीच कारवाय करपाचे निदेश आपणें एफडीएक दिल्यात. ते प्रमाण कारवाय सुरू आसा. फुडारांत ही कारवाय आनीक खर करतले अशें मंत्री राणे हांणी सांगलें.

रश्मि 65

गोंय पुलीशेच्या **crime branch** चीन आयज बेटींग रेकॅट रेड मारली.दक्षीण गोयच्या नागोवा आनी उत्तर गोयात बांबोळे हांगा हे रॅकेट चलताले.ह्या रॅकेटान **34** जणांक अटक केला.जाल्यार **101** मोबायल फोन,**16** लॅपटोप तशेंच सुमार **4** लाख रूपयाचे सामान जप्त केला. फाटल्या **4** म्हयन्यासावन हे रॅकट चलताले अशी म्हायती **crime** पुलीस अधीक्षक अक्षत कौशल हांणी पणजे पुलीस मुख्यालयात घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेत दील्या.जाल्यार **IPL batting 6** प्रकरणा नोंद जाल्यात अशी म्हायती तांणी दील्या.

**DIP** 70

दक्षीण गोंय जिल्हो न्याय दंडाधिकाऱ्यान मुरगांव तालुक्यातल्या मांगुरहिल वाठारांत वरूणापूरी सावन वास्को वटेन वचपी अंतर्गत रस्त्याचेर गॅरिसन इंजिनियरींग कचेरीच्या मुखेल गेटी पयली सुमार 10 मिटर अंतराचेर एक हम्प प्रकाराचो स्पीडब्रेकर घालपाचो आनी नियोजीत स्पीडब्रेकरा पयली एक ब्लिंकर बसोवपाचो आनी येरादारीक सुचोवणी दिवपी तकटे लावपाचो आदेश दिला. तशेंच

दाबोळी सावन बोगमाळो दर्या वटेन वचपी  अंतर्गत रस्त्याचेर  20 मिटर अंतराचेर एक हम्प प्रकाराचो  स्पीडब्रेकर घालून   येरादारीक सुचोवणी दिवपी तकटे लावपाचो आदेश  दिला.

**DIP** 40

मालमत्ता आनी भुंय नोंदणी खात्यावतीन फाल्या पणजे मिनेझीस ब्रागांझा सभाघरांत सांजेच्या 3.00 वराचेर आयोजीत कार्यक्रमात राष्ट्रीय सर्वेक्षण दीस मनयतले. महसूल मंत्री आतानासियो मोन्सेरात कार्यक्रमाक मुखेल सोयरे जाल्यार महसूल खात्याचे जोड सचीव  नाईक हे मानाचे सोयरे आसतले.

**DIP** 85

बेकायदेशीर जमीन भरप, बेकायदेशीर दोंगुल्ल्यो कापप आनी बेकायदेशीर बांदकाम तपासपा खातीर उत्तर गोंयच्या जिल्लो जिल्होधिकाऱ्यान तालुक्या पांवड्यार फ्लायिंग स्क्वाड स्थापन केला आनी थळाव्या अधिकाऱ्यां वांगडा मामलेदार , तलाठी आनी फ्लायिंग स्क्वाड हांकां अशे बेकायदेशीरपण वळखुपाक, तपासपाक आनी काडून उडोवपाक निर्देश दिला.अनधिकृत/बेकायदेशीर बांदकाम, बेकायदेशीर जमीन भरप वा दोंगरा मोडपाची खंयचीय घडणूक सकयल दिल्ल्या तालुका पांवड्यावेल्या भररी पंगडाच्या संपर्क क्रमांकाचेर फोन करून/व्हॉट्सॲप **30** उतरां मेरेन संदेश फोटो सयत धाडून सांगचें अशें लोकांक आवाहन केलां. पर्यायान उत्तर गोंय जिल्लो नियंत्रण कक्षांत **2225383** आनी आपत्कालीन हेल्पलायन क्रमांक **100/112** हाचेरुय कागाळी दाखल करूं येतात.

तापमान **70**

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान**34** डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान **26** डिग्री सेल्सिअस आनी हवेतली आर्द्रता **72 %** नोंद जाला. राज्यात फुडले चार दिस **35-26** डिग्री सेल्सिअस तापमान आसतले आणि फुडले चार दिस हवामान वताळ आसले तरिय काय दुर्गम वाठरांनी दमट उष्ण तापमान आसू

येता.वारे वराक 45 ते 50किलो मिटर वेगान व्हावतले देखून नुसते मारानी खोल दऱ्यांत वचचे न्ही अशे वेधशाळेन कळीत केला

महेश 40

कोंकणी चळवळीचे जनक शणै गोंयबाबांच्या पुण्यतीथी निमतान आज खांडोळें-माशेलांतल्या सरकारी महाविद्‌यालयात कार्यावळ जाली शणै गोंयबाब हांच्या फ्रेंच आनी इंग्लीश नाटकांचे अणकार विद्‌यार्थ्यांनी बारीकसाणेन अभ्यासचे अशें आवाहन नामनेचे लेखक मुकेश थळी हांणी केलें. ते उपरांत विद्‌यार्थ्यां खातीर थळी हांचें बातम्यांचो अणकार ह्या विशयाचेर व्याख्यान जालें.